Akashvani Panaji Regional news 2 august 2025 7.25 am

प्रशिक्षीत खाजगी नर्सींची वाडटट्या मागणेचो प्रस्न सुटावो करपाखातीर राज्यांतल्या संस्थांनी आनी हॉस्पिटलांनी खाजगी नर्सिंग अभ्यासक्रम सुरू करचे असो उलो मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी केला. खाजगी नर्सी उणावा विशीं विधानसभेंत शुन्य वराक विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी विशय उपस्थीत केल्लो. Byte सरकारान स म्हयन्यांचो खाजगी नर्सिंग अभ्यासक्रम सुरू केला. असो अभ्यासक्रम सुरू करपाक तयार आशिल्ल्या खंयच्याय संस्था वा हॉस्पिटलाक सरकार पुराय आदार दितलें अशें  मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

---

मुखेलमंत्री दोतोर  प्रमोद सावंत  हांणी  शएतांनी काम करपी मनसबळ कमी जाल्यान ग्रामीण उदरगत यंत्रणेवरवी मनरगाचे जे कामगार काम करातता ,तांका शेतांच्या कामाखातीर  उपेगात  हाडपाविंशी  विचार  सरकार करता अशी म्हायती  सभाघराक दिली.  गोंयांत  शेता रोयताता त्या जमनित उणाव जायत चल्ला ही बाब  मुखेलमंत्र्यान मन्य केली.  मात  सध्या गोंयांत शेतकी पिकावळीचे प्रमाण वाडला,फलोत्पादन म्हामंडळाच्य वाढीव जाल्या शेतकी पिकावळीच्या उत्पादनावेल्यान ताचो अदमास येता अशे म्हणला.  खजान सेती पुर्नजिवित केल्या उपरांत  व्हडा प्रमाणात  शेतकी पिकावळीत राज्यात वाढ जातली अशे मुखएलमंत्र्यान महणला.

गोंयचो मानकुराद आंबो संसारभर फामाद , मात सध्याची परीस्थिती  पळयत जाल्यार राज्यातली मानकुराद आंब्याची पिकावळ उणी जाला, शेतकी खाते दर वर्सा प्रत्येक मतदारसंघात  काजु  , कवाथे . आंब्याची, तशेंच फुलांचे आनी हेर  झाडांची रोपा दितात, ह्या रोपामदी खास करून मानकुराद आंब्याची कलमांचे वाटप झाडा वाटपाच् कार्यावळीदरम्यान जावचे अशी  सुचोवणी आमदार केदार नायक हांणी केला.  प्रस्नेत्रराच्य वेळार तांणी ही बाब सबाघराच्या नदरेक हाडुन दिला. जाल्यार शेतकारांक  पिकावळीचेंर दिवपी हमीभावात वाढ करची ,तशेंच हातान रोपणी करपी  करपाच्या  शेताच्य कामाक  त्रास जाता  ताका लागुन शेतकी  खात्यावतीन जे कृशी यंत्र दितात त्या मशिनाच्या वेळ देड वर तरी करचो अशी मागणी केदार नायक हांणी केल्या.

---

फाटले दाेन म्हयने गाेंयांत बंद आशिल्ली नुस्तेंमारी आयज फांतोडेसावन परत सुरु जाल्या. आयज पयल्या दिसा दक्षिण गोंयांतल्या कुटबण ह्या जेटीवयल्यान कांय नुस्तेमारी ट्रॉलर नुस्ते मारपाखातीर दर्यात गेल्यात.काल राती १२ वरांचेर ही बंदी उक्ती जाली. फाटले दोन दिस दर्यो थंड आशिल्ल्यान कांयजाणांनी आयज पयल्याच दिसासावन नुस्तेमारीक सुरुवात केल्या अशी म्हायती कुटबण हांगाचे नुस्तेमारांचे फुडारी विनय तारी हांणी दिली.

---

दक्षिण गाेंय जिल्हो पंचायतीच्यो अध्यक्ष वेंचून काडपाखातीर जाहीर जाल्ले वेंचणुकेखातीर आज भाजपच्यो उमेदवार अनिता थोरात हांचो एकमेव उमेदवारी अर्ज आयलो. हेखातीर त्यो बिनविरोध वेंचून आयिल्ल्यात जमा जाल्यात. मात हे विशींची अधिकृत घोशणा सोमारा ४ ऑगस्ट दिसा जावपाची आसा.आदल्यो अध्यक्ष संजना वेळीप हांणी आपल्या पदाचो राजिनामो दिल्ल्यान रिते जाल्ले हे पद भरून काडपाखातीर सोमारा वेंचणूक जाहीर केल्ली. आज वेंचणूक अर्ज भरपाचो निमणो दिस आशिल्लो. थोरात हांचो एकूच अर्ज दाखल जालो. थोरात हांच्या अर्जाक आदल्याे अध्यक्ष वेळीप हांणी तेंको दिला.तेआदीं भाजपचे वरिश्ठ फुडारी आनी आदले खासदार विनय तेंडुलकार हांचे यजमानकेखाला भाजपच्या दक्षिण गोंय जिल्हाे पंचायत वांगड्यांची बसका जाली आनी हे बसकेत थोरात हांचे नाव उमेदवार म्हणून जाहीर केले.

---

पणजी वेधशाळेन नोंद केळल्या प्रमाण राज्यात pवसचो नेट यूएनओ जल फटल्या 24 वरात राज्यात चादश जयज्ञांचेर हलको ते माध्यम पावस पडलो . फुडले 8 दिस राज्यात अशीच स्थितही आसतली असो अदमास वेधशाळेन उक्तायला .

---

क्रिकेटांत आयज लंडनांतल्या द ओव्हलांत अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीचे पांचवे आनी निमाणे कसोटीच्या तिसऱ्या दिसा यजमान इंग्लंडा आड भारत आपलो दुसरो डाव परतून सुरू करतलो. भारतीय मानक वेळा प्रमाण दनपारां 3:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.